# <u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक होळयेची परबीं</u>

ता. 2 मार्च 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी होळीच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या सगळ्यां लोकांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, होळी हो रंगांचो उत्सव, जो वसंत ऋतू मोसमाचे आगमन आनी नविनीकरण, अपेक्षा आनी सद्‌गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. हो उत्सव आमकां सत्य, न्याय्य आनी विविधतायेत एकजूट ह्या मुल्यांचो उगडास करून दिता. ह्या उत्सावाची परंपरा आमकां आमच्या श्रध्देचेर विस्वास दवरपाक, नैतिक मुल्यां उखलून धरपाक आनी सत्याफाटल्यान धिटायेन रावपाक प्रेरणा दिता आनी नकारात्मकतेचेर सत्याचो विजय निश्चित आसा, हाची खात्री दिता.

हो खुशालकायेचो उत्सव मनयतना हांव प्रत्येकाकडेन मागता, की होळी उत्सव सुरक्षीत आनी पर्यावरणीय जापसालदारकीच्या भावनेन मनोवचो. आमी सगळ्यांनी सैमिक आनी इकोफ्रॅण्डली रंगांचो उपेग करूया, उदकाचो सांबाळ करूया आनी आमच्या उत्सवाक लागून दुसऱ्यांचें वा सैमाचे लुकसाण जावचे ना हाची खात्री करूया आनी फुडल्या पिळग्यांखातीर बरी देख घालून दिवया.

होळी उत्सवाच्या भावनेतल्यान आमची जीण शांतीकाय, प्रगती आनी सकारात्मकतेन प्रकाशीत जांव. परत एक फावट हांव गोंयच्या तमाम लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं भेटयता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/150

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.